Rajashri kamat national news 01.10.2025 @ 8.40 am

आयज सकाळीं नवी दिल्लींत जावपी राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघ RSS च्या शताब्दी उत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतले.

भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज चलन धोरणाचेर नियाळ जाहीर करपाची आसा.

भारत-युरोपियन मुक्त व्यापार संघटना (EFTA) व्यापार आणि आर्थिक भागीदारी करार (TEPA) आज सावन अंमलात येतलो.

भारतान आयसीसी बायला विश्वचषक २०२५ च्या मोहिमेची सुरुवात काल रात्री गुवाहाटीत श्रीलंकेआडचच्या विजयान केली

RSS 50

आयज सकाळीं नवी दिल्लींत जावपी राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघ RSS च्या शताब्दी उत्सवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतले. शताब्दी उत्सवांत RSS चे दायज, ताचें सांस्कृतीक योगदान आनी देशाच्या एकचारांत तांच्या भूमिकेचेर उजवाड घालतले. ह्या निमतान प्रधानमंत्री राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्या राष्ट्राखातीर दिल्या योगदानार उजवाड घालपी खास डिझाइन केलेले स्मारक टपाल तिकीट आणि नाणे प्रकाशित करतले.

GST 220

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी २२ तारखे सावन सुरू केल्या जीएसटी बचत उत्सवाचो समाजातल्या सगळ्या घटकांक फायदो जाता . The next gen GST सुधारणा भारताची अप्रत्यक्ष कर प्रणाली सुलभ करपाच्या दिशेन एक महत्त्वपूर्ण पावल आसा. वेगवेगळ्या वस्तू आणि सेवांवेलो कर दर कमी करून ह्यो सुधारणा

नागरिकांक व्हड थाकाय दिता. ग्राहकांक व्हड थाकाय दिवपाक जीएसटी परिषदेन एअर कंडिशनर्स आणि डिशवॉशरावेलो कर दर २८ टक्क्यां वेल्यान १८ टक्के केला या महत्त्वपूर्ण पावलाक लागुन मध्यमवर्गीय कुटुंबांक परवडपी क्षमता वाढून तांचेवेलो आर्थिक ताण कमी जातलो. याव्यतिरिक्त, डिशवॉशर वेलो जीएसटी दर कमी केल्यान ते घरां खातीर अधिक परवडपी जातले. राहणीमान सुलभ जातली आणि वाहन चलोवपाचे प्रमाण वाडतले त्याचप्रमाण टेलिव्हिजन आणि नॉन-टीव्ही मॉनिटर्स वेलो कर आदीच्या २८ टक्क्यां वेल्यान १८ टक्के केला. या निर्णयान या उपकरणांची मागणी थेट वाडतली जाका लागुन देशांतर्गत उत्पादकांक बाजारपेठेचो आकार वा डोवपाक मदत जातली. वेपर्यांनी सरकारच्या निर्णयाचे स्वागत केला आणि म्हणला की नवीन जीएसटी सुधारणांक लागुन लोकांक फायदो जाता.कमी केल्या कर स्लॅबाक लागुन फक्त थलाव्याच्या  प्रयत्नांकुच ना तर आयातीचेर अवलंबुन रावपय  कमी जातले वस्तू आणि सेवां वेलो कर दर कमी करून या सुधारणानी नागरिकांक थाकाय दितना घरां घेवपाक परवडची म्हण सरकारान सिमेंट, मार्बल आणि ग्रॅनाइट सयत बांधकाम साहित्या वेलो जीएसटी कमी करून सामान्य माणसा वेलो  भार कमी करपाक एक महत्त्वाचे पाऊल उखलला.Byte PM

स्टोरी 20

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणा खाला भारत वैश्विक भागीदार म्हण उदेता. हे विशिचो खबरा विभागाचो हो आसा खासा रिपोर्ट BYTEग्लोब;

स्टोरी २०

भारत फाटल्या पाच वर्सा सावन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या मार्गदर्शनाखाला कित्ल्याशाच देशाक मानवतावादी मदत आणि आपत्ती निवारण सेवाची पुरवण करता. हे विशी विस्तारान सांगपी हो आसा खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट BYTE SUPPORT

RBI 40

भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज चलन धोरणाचेर नियाळ जाहीर करपाची आसा. अर्थीक परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर आनी मुखेल धोरणात्मक दरांचेर निर्णय घेवपा खातीर आरबीआयचे चलन धोरण समितीची तीन दिसांची बसका सोमारा मुंबयत सुरू जाली. आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा सकाळीं 10 वरांचेर बसकेचो निकाल जाहीर करपाचे आसात.

वाणिज्य आणि उद्योग 70

भारत-युरोपियन मुक्त व्यापार संघटना (EFTA) व्यापार आणि आर्थिक भागीदारी करार (TEPA) आज सावन अंमलात येतलो. वाणिज्य आणि उद्योग मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला  की फाटल्या वर्सा १० मार्चक नवी दिल्लीत या कबलातीचेर सय केल्ली.

स्पोर्ट्स 35

भारतान आयसीसी बायला विश्वचषक २०२५ च्या मोहिमेची सुरुवात काल रात्री गुवाहाटीत श्रीलंकेआडचच्या विजयान केली. हरमनप्रीत कौराच्या फुडारपणा खालच्या पंगडान सुरवातीच्यो आडमेळी पयस करून डीएलएस पद्दतीन 59 धांवड्यांनी जैत मेळयलें. ऑलराउंडर दीप्ती शर्मा हांणी अर्दशतक करून निर्णायक तीन बळी घेतले.

हवामान 20

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या 2-3 दिसांत कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, यानम आनी राजस्थानात  हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या